**उत्कृश्ट प्रशासन सप्तक**
**उत्तर गोंयांतल्या उपजिल्हाधिकारी कार्यालयां वतीन शिबीरांचे आयोजन**

ता. 17 डिसेंबर 2024

उत्तर गोंयांत 19 ते 23 डिसेंबर मेरेन उत्कृश्ट प्रशासन सप्तक पाळपात येतले. सप्तकाच्या काळात उत्तर गोंयांतल्या जिल्हाधिकारी कार्यांलयांवतीन लोकांची गारांणी आनी समस्यां सोडोवपा खातीर शिबीरांचे आयोजन करपात येतले.

तिसवाडी, बार्देस, पेडणे, दिवचल, सत्तरी जिल्हाधिकार कार्यालयांत 18 आनी 20 डिसेंबर दिसा सकाळी 10.00 ते दनपारां 12.00 मेरेन शिबीर जातले. तशेंच 21 डिसेंबर दिसा सकाळी 10.00 ते सांजेची 4.00 ह्या वेळेत गोमंतक साहित्य सेवक मंडळ, मिनेझिस ब्रागांझा संस्था, तिसवाडी, पेडे खेळा मैदान, बार्देस, मोरजी पंचायत सभाघर, पेडणे, उपजिल्हाधिकारी कार्यालय, दिवचल आनी उपजिल्हाधिकारी कार्यालय सत्तरी हांगा खास शिबीर जातले.

विशेश शिबीरांच्या दिसा वेगवेळ्या खात्यांचे अधिकारी उपस्थित रावन लोकांची गारांणी आयकून घेतले.

म्हा /सप/ / विगां/ 2024/704

--

---------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.